प्रादेशिक खबरो 08.05.2025 7.25 am

रश्मि 60

operation सिंदूर वरवी भारतान पाकीस्तानाक चोख उत्तर दीला,हे खातीर प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी तशेंच नौदळ,लश्कर,हवाई दळाची मुखेलमंत्र्यान तुस्त केल्या.2000-2024 मेरेन पाकीस्तानान वेगवगळ्या आकांतवादी हल्ल्यातल्यान भारताच्या सुमार 340 नागरीकांचे जीव गेल्यात.पाकीस्तानाचेर कारवाय हीच खरी चोख जाप अशी मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. शिरगांवा जाल्या चिडदाचिडदीचो सरकारान नेमील्ल्या fact finding समीतीचो अहवाल फाल्या मेळटलो अशी म्हायती मंत्रीमंडळाच्या बसकेउपरांत पर्वरे मंत्रालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदे उपरांत मुखेलमंत्र्यान दीला.

गणेश 100

शिरगांव खेटाखेटींत गंभीर जखमी जाल्ल्या एकाच्या भलायकेत आजूनय कसलीच सुदारणा जावंक ना, अशी म्हायती दोतोरांनी दिली. सध्या गोंय वैजकी महाविद्यालय हॉस्पिटलांत १५ जखमींचेर उपचार सुरू आसात. भलायकी सुदारिल्ल्यान ६ जखमींक डिस्चार्ज दिला, अशें अधीक्षक डॉ. राजेश पाटील हाणी सांगलें. शेनवारा सकाळीं शिरगांवां जात्रेक खेटाखेट जावन ६ जाणांक मरण आयलें. ७० परस चड जखमी जाले. सांखळे, दिवचले भलायकी केंद्रां सयत म्हापशें जिल्लो हॉस्पिटलांत जखमींक उपचारा खातीर व्हेले. शेनवारा सगल्यांत पयलीं १३ जखमींक गोंय वैजकी महाविद्यालय हॉस्पिलांत उपचारा खातीर दाखल केल्ले. हातूंत ४ जाणांची

भलायकी सामकी इबाडिल्ली. दुसऱ्या दिसा म्हापशें हॉस्पिटलांतल्यान कांय जखमींक गोमॅकोंत धाडिल्ल्यान जखमींचो आंकडो वाडलो. आतां गोमॅकोंत आशिल्ल्या २१ जखमीं मदल्या ६ जाणांक डिस्चार्ज दिला.

सुभाष 95

अनुसुचीत जातीच्या विद्यार्थ्यां खातीर देशांतल्या नामनेच्या निवासी म्हाविद्यालयांनी प्रवेश मेळोवपा खातीर 'श्रेष्ठा नेट परिक्षेचे अर्ज स्वीकारपाची प्रक्रिया सुरवात जाल्या. ही नेट परिक्षा राष्ट्रीय परिक्षा मंडळ घेता. अंदूंची परिक्षा आयतारा, १ जून २०२५ दिसा, दनपारां २.०० ते ५.०० मेरेन जातली. केंद्रीय समाजीक न्याय आनी सशक्तीकरण मंत्रालयान आनी राज्य सरकाराच्या समाजीक उदरगत खात्यान अनुसुचीत जातींतल्या हुशार आनी होतकरू विद्यार्थ्यांक बऱ्या गूणांनी ही परिक्षा पास करून श्रेष्ठ येवजणेचो लाव घेवचो अशें आवाहन केलां. ही परिक्षा पास जाले उपरांत देशांतल्या नामनेच्या निवासी महाविद्यालयात प्रवेश मेळटा आनी ह्या शिक्षणाचो सगळो खर्च केंद्र सरकाराच्या समाजीक सशक्तीकरण मंत्रालयावरवी जाता अशेंय ह्या खबरेंत म्हळां.

गणेश 140

वीज खात्या वतीन पावसा पयलींच्या दुरुस्ती कामां खातीर पुराय राज्यांत आतां 'पावर शटडाव'नचें सत्र सुरू जातलें. आत्र्या पयऱ्यान पावर शटडावन सुरू जातलो. पावर शटडावनाची कळोवणी दिसाळ्यांनी नोटीस जारी करून दितले. 10 मेक पावर शटडावनाक लागून बार्देस आनी पेडणें

म्हालाक सकाळीं वीज पुरवण जावची ना, अशें वीज खात्यान कळीत केलां. शेनवारा 10 मेक थिवी सबस्टेशनांतल्या 220 केव्ही लायनीची दुरुस्ती जातली. हाका लागून बार्देस आनी पेडणें म्हालाक सकाळीं 6 ते दनपारां 2 मेरेन वीज पुरवण जावची ना. म्हापशें जिल्हो हॉस्पिटल, मोपा विमानतळ आनी अस्नोडें उदका पुरवण प्रकल्पाची वीज पुरवण सुरू उरतली. दिवचल म्हालाक आमोणें सबस्टेशनांतल्यान वीज पुरवण जातली.

पावसा पयलीं सबस्टेशन, ट्रान्सफॉर्मर तशेंच विजेच्या लायनीची तपासणी करची पडटा. हाका लागून शटडावन घेवप गरजेचें थारता. पुराय राज्यांत सगली कडेन आतां शटडावन जातलो. हो शटडावन काय वरां खातीर जातलो. लायनी कुशीचीं झाडां कापपा सयत हेर दुरुस्तीचीं कामां करतले अशें वीज मंत्री सुदिन ढवळीकार हांणी सांगलें.

DIP100

पणजेची संस्था मेनेझेस ब्रागांझा 24 में क प्रियल फार्म हाऊस, खांडेपार, फोंडा हांगा "बहुभाषी बायलांचो साहित्यीक मेळाव" घडोवन हाडटा दर वर्सा ही संस्था गोंय राज्यांतल्या वेगवेगळ्या भाशांतल्या नामनेच्या लेखकांक आनी कवींक आपोवन हाडटा आनी राज्यांतलें साहित्य, कला आनी संस्कृताय तिगोवन दवरपाचो आनी प्रचार करपाच्या हेतान कार्यशाळा, परिसंवाद, सर्त आदी वेगवेगळे कार्यावळी घडोवन हाडटा.

समाजीक वावुरपी सुलक्षणा सावंत 24 मे क सकाळी 9:00 वरांचेर हेर मानेस्तांच्या हाजिरेंत ह्या मेळाव्याचें उक्तावण करतली. साहित्याच्या मळार योगदान दिवपी नामनेच्यो बायल व्यक्ती ह्या मेळाव्यांत वांटो घेतली. ह्या सत्रांनी नामनेच्या बायल कवी/लेखकांचे सादरीकरण, पॅनल

चर्चा, येवपी लेखकां खातीर मार्गदर्शन आदी आसपावीत आसतले. समारोप सुवाळो त्याच दिसा सांजवेळा 4:30 वरांचेर जातलो.

तापमान 50

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत कमाल तापमान 35.7 डिग्री सेल्सिअस नौद जाला तर किमान 35.4 डिग्री सेल्सिअस आनी हवेतली आर्द्रता 71% नोंद जाला. राज्यात फुडले चार दिस 35-27 डिग्री सेल्सिअस तापमान आसतले आणि फुडले चार दिस हवामान वताळ आसले तरिय काय वाठरांनी गडगड मारून पावस पडू येता अशे वेधशाळेन कळीत केला

DIP 100

भारतीय मानक ब्युरोन (बीआयएस) नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार खात्याच्या सहकार्यान गाँय राज्या खातीर राज्य पातळेचेर मानकीकरण समितीची पयली बसका घडोवन हाडली. ही बसका मुखेल सचीव आयएएस डॉ. व्ही. कंदावेलू हांच्या अध्यक्षतेखाला येसस्वीपणान जाली. हे बसकेचे अध्यक्षपद संजीत रॉड्रिगीस, आयएएस, नागरी पुरवण आनी गिरायक वेव्हार सचीव हांणी केलें. गोंय राज्य सरकार आनी बीआयएस हांचे मदलो समन्वय वाडोवपा खातीर आनी भौशीक खरेदी, मुळावी बांदावळ आनी प्रशासना सयत वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी भारतीय मानकांक आपणावपाक चालना दिवपा खातीर राज्य पांवड्यावेली प्रमाणीकरण समिती स्थापन केल्या. भारतीय मानक ब्युरो कडल्यान प्रवीण खन्ना, दक्षिण प्रादेशिक कार्यालयाचे उपमहासंचालक जी वेंकटनारायण आनी बीआयएस हुबली शाखा कार्यालयाचे संचालक आनी मुखेली पी.एन. मुरली हांणी बसकेक हाजीर आशिले.